**Panaji regional news 12 July 2025,7.20pm**

## मुखेलमंत्री

मुल्यवर्धक शिक्षणाच्या माध्यमातल्यान विद्यार्थ्यांक न्याय, स्वातंत्र, समता, बंधुता हाचेविंशी जाणवीकाय येवची म्हण यत्ता पयली ते 8 वीच्या विद्यार्थ्यांक शिक्षण दितात. हे शिवाय आठवीच्या विद्यार्थ्यांक शेतकी, नर्सिंग, वोकेशनल अभ्यासक्रम अशे मनीसबळ तयार करपी प्रशिक्षण ह्या शिक्षणाच्या माध्यमातल्यान दिता अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मुल्यवर्धन उपक्रमावरवी शिक्षण खात्यान , तशेच गोंय शिक्षण उदरगत म्हामंडळान आयोजित केल्या तीसऱ्या आवृत्तीच्या वर्च्युअल कार्यावळीवेळार उलयतना म्हणला.

हयावेळार वेगवेगळ्या शाळांच्या मुख्यध्यापकांनी, तशेंच शिक्षक, विद्यार्थी आनी पालकांनी ह्या वर्च्युअल परीशदेत वाटो घेतिल्लो. गोंयचो शिक्षण मळ घटमुट करतना बऱ्या सांलांच्या इमारतीसयत, स्मार्ट बोर्ड, ग्रीन स्कुल संकल्पनेवरवी शाळा, डीजीटल टुल्सांचो उपेग करुन विद्यार्थ्यांक शिक्षण दिवपाक गोंय सरकार महत्व दिता अशें शिक्षण मंत्री तशेंच मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हयावेळार म्हणला.तशेचं 440 सालातंल्यान सध्या 65 हजारावयर विद्यार्थी कोडींग आनी रोबोटीक विशयाचे शिक्षण घेतात अशी म्हायती तांणी दिल्या. जाल्यार मुल्यवर्धक शिक्षमाचो लाव सुमार 80 हजार विद्यार्थ्यांक जाला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

मुल्यवर्धन शिक्षमावरवी कोयराचो विल्हो कसो लावप, शारीरीक कवायती, योगा, तशेंच रस्त्याचे नेम कशे पाळप हे विशी लेगीत विद्यार्थ्याकं शिकयतात अशी म्हायती हयावेळार मुखेलमंक्ष्यान दिला.

वर्च्युल पध्दतीन जाल्य हय कार्यावळीक शिक्षण संचालक शैलेश ढिंगडे, गोयं सिक्षण उदरगत म्हामंडळाचे ध्यक्ष गोविंद पर्वतकार, शांतीलाल मुक्ता

फांऊंडेशनचे शांतीलाल मुक्ता ,तशेंच शिक्षण खात्यातले हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

**रो- रो फेरीबोट**

रायबंदर चोडण रो- रो फेरीबोट सेवा 14 जुलयाक उक्तावण जातले अशी म्हायती न्हंय येरादारी मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दिल्या. ह्या मर्गाचेंर द्वारका आनी गंगोत्री ह्या नावाच्यो दोन रो - रो फेरीबोटी सुरु जातल्यो अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी दिल्या.

ह्या फेरीबोटीत 15 मोटरी, 40 मोटरसायकली आनी 100 पेसेंजर व्हरपाची ताक आसा, जाल्यार रायबंदर ते चोडण न्हंयमार्ग ती वट्ट 7 मनिटांनी पार करतली.हे शिवाय गाडयांची शिस्तीत पार्कींग जावची म्हण पार्कींगाची आखणी, प्रवाशांक वातानुकीलीत बसपाची क्षमताय, आसा. विजय मरायन्स ह्या फेरीबोटीचे कामकाज पळयतले अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी दिल्या. पर्यटकांची आदार कार्ड तपासुन तांका शुल्क फेरीबोट प्रवासाखातीर शुल्क लायतले. हे शिवाय जर खंयच्या प्रवासाची भलायकी इबाडली जाल्यार प्रथमोपचार दिवपी सुविधा ह्या पेरयेत आसा.

दिवार आनी बेती पर्वरी पंचायतीनी न्हंय येरादारीकडे अश्यो रो- रो फेरी बोट तांच्या न्हंय मार्गाचेंर घालच्यो अशी मागणी केल्याची म्हायती मंत्री सुभाश पळदेसाय हांणी दिली.

**दर्याचे बेसांव**

मडगाव: दर्यात नुस्तेमारीची व्हडी सोडच्याआदी कोलवा, बाणावली आनी वार्का हांगांच्या पारंपारिक रांपणकारांच्यावतीन दर्याचे बेसांव घेवपाखातीर मार्ग हो विधी जाता. ह्यावेळार दर्याच्या काठार आशिल्ल्या खुरसाची लादिन जाता. आनी त्या

उपरांत नुस्तेकार आपल्या व्हड्यांचेर आनी नुस्ते मारपी जाळ्यांचेर देवाची प्रार्थना करुन आशिर्वाद घेतात.

आयज हो विधी वार्का हांगा जालो. बाणावलेच्या होली ट्रिनिटी चर्चचे फा. क्लिफर्ड फर्नांडिस हांणी ह्यावेळार देवाची प्रार्थना करुन सांगणी केली. उपरांत व्हड्यांचेर अानी जाळ्यांचेर देवाचो आशिर्वाद घालो. ही प्रथा जाल्या उपरांतच पारंपारिक रांपणकार पावसाउपरांत आपली व्हडी दर्यात सोडतात अशी म्हायती थळावे नुस्तेकार पेले फर्नांडिस हांणी दिली.

सध्या गोंयांत नुस्तेमारी बंदी लागू आसली तरी एक एकोडो मोटर वापरुन नुस्तेमारी करपी पारंपारिक व्होडेकारांक ही बंदी लागू जायना. जर दर्यो शांत आसलो जाल्यार फाल्या वा परां आमी आमची नुस्तेमारी सुरु करतले अशें फर्नांडिस हांणी सांगलें.

**स्मार्ट सिटी**

पणजी भारताच्या निवळ शारां मदलें एक शार म्हूण ताजपोशी जालो स्मार्ट सिटी पणजीक नितळसाण, नितळसाण, आनी टिकावू शारी उदरगतीच्या मळार केल्ल्या अपवादात्मक कामगिरीची वळख करून दिवन स्वच्छ सर्वेक्षण 2024 वर्सा प्रतिश्ठीत राष्ट्रपती पुरस्कार फावो जाला.

स्वच्छ सर्वेक्षण 2024 केल्ल्या सर्वेक्षणावरवी पणजी शाराची नितळसाणीखातीर निवड जाल्या. राष्ट्रपती द्रोपदी मुर्मु हांच्या हस्तुकी 17 जुलयाक नवी दिल्लींत हो पुरस्कारर दितले. पणजी म्हापालीकावतीन मेयर रोहित मोन्सेरात आनी पणजी म्हापालीकेचे आयुक्त क्लेन मदेरा हो पुरस्कार स्विकारतले.

**डॉ. फ्रान्सिस कुलासो हा**

मडगाव: गोंयचे नामनेचे काळजा पिडेचे तज्ञ डॉ. फ्रान्सिस कुलासो हांकां अमेरिकन सोसायटी ऑफ इको कार्डिओग्राफी या संवसारीक नामनेच्या संस्थेची फेलोशिप जाहीर जाल्ली अासून असो हो संवसारीक सन्मान मेळोवपी डॉ.

कुलासो हे संवसारभरातले ३१ वे तज्ज्ञ थारल्यात. हो पुरस्कार मेळोवपी डॉ. कुलासाे हे पयलेच गोंयकार जावन आशिल्ल्यान गोंयांखातीर ही सन्मानाची गजाल जावन आसा. हे आदीं आनीक दोन भारतीय तज्ज्ञांक ही फेलोशिप फावो जाल्ली.

६ सप्टेंबराक अमेरिकेत नॅशविल हांगा जावपी हे सोसायटीच्या विज्ञानिक परिशदेत तांकां ही फेलोशिप अधिकृतरितीन फावो करतले अशें सोसायटीन तांकां बरयिल्ल्या पत्रात म्हळां.

अापणे केन्नाय पुरस्कार मेळपाखातीर काम केल्ले ना. म्हज्या हातान दुयेंतींची सेवा जाता हाेच म्हजेखातीर सगल्यात व्हड पुरस्कार अशें म्हाका दिसता. मात हो संवसारीक पुरस्कार मेळिल्ल्यान म्हाका खोस जाल्या आनी ताचे फाटले कारण म्हणजे, हो पुरस्कार मेळपी हांव पयलोच गोंयकार जावन आसा हाची म्हाका चड उमेद जाल्या अशें डॉ कुलासो हांणी सांगलें.

**खांडोळामहाविद्याल**

165

खांडोळा हांगच्या शासकीय कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालयाचें ग्रंथालय आनी माहिती केंद्रान, अंतर्गत गुणवत्ता हमी कक्ष (IQAC) हांचे सहकारान, जीसीएएससीके मीडिया हायलाइट्स - शैक्षणिक वर्स २०२४-२०२५ चें  प्रकाशन केलें. हें प्रकाशनात वृत्तपत्रां, डिजिटल न्यूज मीडिया आनी सामाजिक माध्यमांवय प्रकाशित जाल्ल्या सगळ्या संस्थात्मक खब्रांचें  संकलन आसा. तातूंत प्राध्यापकांचे शैक्षणिक प्रकाशनांचो एक खास वाठार आसा, जो महाविद्यालयाच्या प्राध्यापकांचें  योगदान दाखयता.ह्या समारंभाक मुखेल सोयरे म्हणून प्रो. सूर्यजब्रत बुरागोहैन, हाजिर आशिल्ले. ह्या वेळार प्राचार्या प्रो. पूर्णकला सामंत, उप-प्राचार्या प्रो. सीमा पी. साळगांवकर, आनी आयक्यूएसी संचालिका डॉ. दिलेक्टा डी'कोस्टा, ग्रंथपाल श्री. अजित फरास, सविता माशेलकर, सिद्धी एस.

शेटकर आनी हेर प्राध्यापक तशेंच प्रशासकीय कर्मचारी उपस्थित आशिल्ले.हें संकलन ग्रंथपाल  अजित फरास हाणें ग्रंथालयाच्या  मदतीन तयार केलें, हातुत सविता माशेलकर  सिद्धी शेटकर  आनी  चित्रेश गावस  हांचो सहभाग आशिल्लो. जीसीएएससीके मीडिया हायलाइट्स हें संस्थेच्या सार्वजनिक उपस्थितीचें आनी शैक्षणिक सहभागाचें एक एकत्रित दस्तऐवज म्हणून काम करतलें.प्राचार्या प्रो. पूर्णकला सामंत हाणें आपल्या भाशणांत मीडिया दस्तऐवजीकरणाचें मोल संस्थात्मक प्रगती आनी गुणवत्ता वाडवपाचें साधन आसा, हें प्रकाशन महाविद्यालयाचें समाज आनी शैक्षणिक समुदायाशी सातत्यान सहभागाचो साक्ष आसा अशे म्हळे.

**पावसा**

सध्या गोंयांतल्या पावसाचो नेट उणो जाला.पुणून मदीं मदीं व्हड पावस पडपाची नोंद सुरू आसा गोंयांत १जुन ते ११ जुलय ह्या काळांत सरासरी ५०.०४इंच पावसाची नोंद जाल्या.संबंदीत काळांत राज्यांतल्या १४ केंद्रांतल्यान स केंद्रानी सरासरी ५० इंच पावस पुराय केला.आतांमेरेन सगळ्यांत चड ७५.९०इंच पावस धारबांदोड्या वाठारांत नोंद जाला.हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांत दडकांनी पावस शिवरपाचो अदमास उक्तायला.ते प्रमाण फुडल्या तीन दीसांखातीर पावसाचो यलो एलर्ट जारी केला.फुडल्या पांच दिसांत राज्यांत चडांत चड तापमान ३१अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २५अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.मजगती,वराक ४५ तें ५५किलोमीटर वतीन वारें व्हावपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या आनी नुस्तेमारप्यानी खोल दर्यांत वचचें न्हय अशी शिटकावणी नुस्तेमारी याक दिल्या.आयज हवामान खात्यांन नोंद केलां तें प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान।      अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २५अंश सेल्सियस नोंद केलां जाल्यार मुरगांवांत चडांत चड तापमान    अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान।    अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.